Panaji National 23rd March 2025 8.40am

- दिल्ली उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश यशवंत वर्मा हांच्या घरात व्हड प्रमाणांत रोख रक्कम मेळिल्ल्याच्या कथित प्रकरणाचो अंतर्गत चवकशेचो अहवाल काल रातीं सर्वोच्च न्यायालयान आपल्या संकेतथळार अपलोड केला.

- भारताचे सकल घरेलू उत्पादन (GDP) फाटल्या 10 वरसात 105 टक्क्यांच्या वाढीसयत दोबराद जाला, 2015 त 2.1 ट्रिलियन डॉलरवेल्यान 2025 त 4.3 ट्रिलियन डॉलर्सचेर पावला. अशे IMFन म्हळां.

- कांद्याच्या निर्यातीवेले 20 टक्के शुल्क 1 एप्रील सावन फाटीं घेवपाचो निर्णय सरकारान घेतला.

- राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी हांणी कॉमन युनिव्हर्सिटी प्रवेश चांचणी – सीयूईटी खातीर नोंदणी तारीक वाडयल्या.

- इंडियन प्रिमियर लीग,आयपीएल टी-20 च्या उक्तावण मॅचींत काल रातीं कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून कोलकाता नाइट रायडर्साक 7 विकेटींनी हारयलो.

SC Report

दिल्ली उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश यशवंत वर्मा हांच्या घरात व्हड प्रमाणांत रोख रक्कम मेळिल्ल्याच्या कथित प्रकरणाचो अंतर्गत चवकशेचो अहवाल काल रातीं सर्वोच्च न्यायालयान आपल्या संकेतथळार अपलोड केला. दिल्ली उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश डी. उपाध्याय हाणी सादर केलल्या चौकशी अहवालात भारतीय चलनाचे चार ते पाच अर्धवट जळिल्ले गठ्ठे सापडिल्ल्याचे सांगपी अधिकृत पत्रव्यवहारांची माहिती आशिल्ली. तशेंच 25 पानांच्या चवकशी

अहवालांत 14 मार्चाक होळीचे रातीं न्यायमूर्ती वर्मा हांच्या घरांत उजो पालोवपाच्या कारवायेचे व्हिडियो आनी फोटो आसपावीत केल्ले, ज्या वेळार रोख रक्कम मेळिल्ली. अहवालात शिफारस केल्याप्रमाण, भारताचे सरन्यायाधीश संजीव खन्ना हाणी न्यायमूर्ती वर्मा हांच्या वेल्या आरोपांची चौकशी करपाखातीर तीन तीन वांगडी समिती स्थापन केल्या. सरन्यायाधीशांन दिल्ली उच्च न्यायालयाच्या मुखेल न्यायाधीशाक न्यायमूर्ती यशवंत वर्माक कसलेंच न्यायीक काम दिवचें न्हय अशें सांगला.

आपल्या जापेंत न्यायमूर्ती वर्मा हाणी सांगलां की तांणी वा ताच्या कुटुंबांतल्या खंयच्याय वांगड्यान केन्नाच स्टोररूमांत रोख रक्कम दवरूंक नाशिल्ली. ताच्या राबित्यांत रोख सापडिल्ल्याचे आरोप हे ताका फसोवपाचे आणि बदनाम करपाचे षड्यंत्र आशिल्ल्याचे स्पष्टपनान दिसून येता अशे तांणी म्हळां.

---------------------------------------------

IMF

भारताचे सकल घरेलू उत्पादन (GDP) फाटल्या 10 वरसात 105 टक्क्यांच्या वाढीसयत दोबराद जाला, 2015 त 2.1 ट्रिलियन डॉलरवेल्यान 2025 त 4.3 ट्रिलियन डॉलर्सचेर पावला. आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधी-IMF न जारी केलल्या आकडेवारीप्रमाण, भारत आता अमेरिका, चीन, जर्मनी आणि जपान उपरांत जीडीपीच्या बाबतीत जगातलो पाचवो सगळ्यांत व्हडलो देश जाला. भारत रोखडोच जपानाक फाटीं घालतलो अशें म्हळां.

---------------------------------------------

Onion Export

कांद्याच्या निर्यातीवेले 20 टक्के शुल्क 1 एप्रील सावन फाटीं घेवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण हाका लागून शेतकारांक फायदेशीर दर मेळटले आनी गिरायकांक कांद्याची उपलब्धता सुनिश्चित जातली. रब्बी पिकांची बरी आवक जावपाच्या अपेक्षेक लागून मंडी आणि किरकोळ दोनूय दर उणे जाल्यात अशें मंत्रालयान सांगले. अदमासा प्रमाण रबी हंगामांत कांद्या सयत पिकांचें चड उत्पादन जाल्यार फुडल्या म्हयन्यांत बाजारांतले दर आनीक उणे जावपाची शक्यताय आसा.देशांतली उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर फाटल्या वर्सा 13 सप्टेंबर सावन 20 टक्के निर्यात कर लागू केल्लो.

---------------------------------------------

DGGI

माल आनी सेवा कर गुप्तचर महासंचालनालयान (डीजीजीआय)न बेकायदेशीर वा अनुपालन कर नाशिल्ल्या ऑफशोर ऑनलायन मनी गेमिंग संस्थांच्यो 357 वेबसाइटस ब्लॉक केल्यात. डीजीजीआयन ऑफशोर ऑनलायन गेमींग कंपनीं आड कारवाय खर केल्या. ऑनलायन मनी गेमींग उद्देगांत देशी आनी परकी कंपनींचो आस्पाव जाता. सट्टो आनी जुगार हांचे संबंदीत सुमार सातशें परकी कंपनी महासंचालनालयाच्या स्कॅनरा खाला आसात. ह्यो कंपनि जीएसटीच्या संदर्भात नोंदणी, कर भरपाक आणि कर नियमांचे पालन करपाक अयशस्वी ठरल्या अशें अर्थ मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

डीजीजीआयन आतां मेरेन भारता भायल्या ऑनलायन मनी गेमींग प्लॅटफॉर्मां कडेन संबंदीत 166 म्यूल खातीं ब्लॉक केल्यात. आतां मेरेन तीग जाणांक अटक केल्या आनी अशा आनीक व्यक्तीं आड चवकशी सुरू आसा. सरकारान लोकांक सावध रावपाचो आनी ऑफशोर ऑनलायन मनी गेमींग प्लॅटफॉर्मां कडेन संबंदीत जावचे न्हय असो सल्लो दिला कारण ताका लागून तांच्या वैयक्तीक अर्थीक स्थितीक धोको निर्माण जावंक शकता.

---

CUET

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी हांणी कॉमन युनिव्हर्सिटी प्रवेश चांचणी – सीयूईटी खातीर नोंदणी तारीक वाडयल्या. अर्जदारांक 24 मार्च मेरेन ऑनलायन अर्ज सादर करपाक मेळटलो. परिक्षा शुल्क जमा करपाची निमाणी तारीकय 23 मार्च वेल्यान 25 मार्च, रातच्या 11:50 मेरेन वाडयल्या. ही एजन्सी 08 मे ते 1 जून ह्या काळांत देशभरांतल्या वेगवेगळ्या शारांनी आनी देशाच्या भायल्या 15 शारांनी कंप्युटर आदारीत परिक्षा घेतली.

---

Patnaik

लोकसभा मतदारसंघांच्या परिसीमना खातीर लोकसंख्येचो एकमेव निकश म्हणून वापर करचो न्हय अशी शिटकावणी बीजू जनता दलाचे अध्यक्ष नवीन पटनायक हांणी दिल्या. हाका लागून लोकसंख्येची वाड येसस्वीपणान नियंत्रीत केल्ल्या राज्यांक अन्यायपूर्वक ख्यास्त मेळटली अशें तांणी सांगलें. पटनायक हाणी सीमांकन प्रक्रियेबाबत लोकांचे हुसके पयस करपाखातीर केंद्र सरकार बरोबर सर्वपक्षीय चर्चा करपाचे समर्थन केले. तामिळनाडूचे मुख्यमंत्री एमके स्टॅलिन

हाणी काल चेन्नईत अपयल्या परिसीमना बाबतच्या पयल्या संयुक्त कृती समितीच्या बसकेंत उलयतना पटनायक हाणी सांगले, केरळ, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, कर्नाटक, पश्चिम बंगाल आणि पंजाब ह्या राज्यांसयत ओडिशान लोकसंख्या नियंत्रण उपायांची यशस्वी अंमलबजावणी केलया. बीजू जनता दलाच्या अध्यक्षांनी चेतावणी दिली की जर 2026 ची अंदाजे लोकसंख्येची आकडेवारी परिसीमनाखातीर आधार म्हणून वापरत तर ओडिशाचे लोकसभा आणि विधानसभेचे जागे वतले.

---------------------------------------------

Sitharaman Chennai

फुडल्या 25 वर्सांत विकसित भारताचे लक्ष्य साध्य करपा खातीर वित्त आयोग येवजण्यो आंखता अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. चेन्नयांत जाल्ल्या चेन्नईत जाल्ल्या चेन्नई सिटीझन फोरमात त्यो उलयताल्यो. नैसर्गिक आपत्तींच्या पैलूं चेरूय लक्ष दितात अशे तांणी सांगले. अमेरिकेच्या दर धोरणा सारकीं भायली आव्हानांय आसात अशें सीतारमण हांणी सांगलें. युक्रेन झूज, चीन वेपार, आंतरराश्ट्रीय उतार-चढाव ह्या सारक्या जायत्या मुद्द्याचो तांणी उल्लेख केलो. शेतकी क्षेत्रांतय बदल करपाची गरज आसा अशें अर्थमंत्र्यांनी सांगलें. 112 आकांक्षी जिल्ह्यांची उदरगत करपाक प्राधान्य दितात अशें तिणें सांगलें.

---------------------------------------------

IPL

इंडियन प्रीमेयर लीग,आयपीएल टी-20 च्या उक्तावण मॅचींत काल रातीं कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून कोलकाता नाइट रायडर्साक 7 विकेटींनी हारयलो.

पयली फलंदाजी करताना केकेआरन 20 ओव्हरींनी 8 बाद 174 धांवड्यो केल्यो. कर्णधार अजिंक्य रहाणेन सगळ्यांत चड 56 धांवड्यो केल्यो, जाल्यार सलामीवीर सुनील नरीन हाणेंय 44 धांवड्यो करून योगदान दिलें. आरसीबी खातीर क्रुनाल पांड्यान 3 आनी जोश Hazlewoodन 2 विकेटी घेतल्यो.

आरसीबीने ताका जाप दितना विराट कोहली आनी फिलीप सॉल्ट हांच्या 95 धांवड्यांच्या भागीदारीक लागून बेंगळुरून फक्त तीन विकेटी वगडावन 17व्या ओव्हरींत विजयी लक्ष्य गाठले.

**आज हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स हांचे मदीं खेळ जातलो. भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली. आनीक एक मॅच चेन्नय सुपर किंग्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमाचेर सांजवेळा 07:30 वरांचेर सुरु जातली.**

**---------------------------------------------**

**ECI**

**वेंचणूक नोंदणी अधिकारी, जिल्लो वेंचणूक अधिकारी आनी मुखेल वेंचणूक अधिकारी हांचे वांगडा राजकी पक्षांची बसका चालू आसा अशें वेंचणूक आयोगान काल सांगलें. देशभरांतले वट्ट 4123 वेंचणूक नोंदणी अधिकारी, ईआरओ आपल्या विधानसभा मतदारसंघांतल्या मतदान केंद्र पातळेचेर प्रलंबीत आशिल्ले प्रस्न सोडोवपा खातीर सर्वपक्षीय बसका घेतात.**

**---------------------------------------------**